8 February 2025 सकाळी - 8.40

मुखेल खबरो

- राजधानी दिल्लींतल्या, सगल्या 70 विधानसभा सुवातांखातीर, 19 मतदान केंद्रांनी, मतमेजणीक सुरूवात जाल्या.
- भारतान 100 गीगा वॅट परस चड, सौर उर्जेचें उत्पादन करून, नवीकरणीय ऊर्जा क्षेत्रात म्हत्वाची मोख साध्य केल्या.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फुडल्या सप्तकात, सोमारच्यान फ्रान्स आणि अमेरिकेच्या राजनैतिक दौऱ्यार वतले.
- एल अँड टी मुंबय, ह्या बायलांच्या उक्त्या एकोड्या टेनिस सर्तींत, माया राजेश्वरन सेमी-फायनलीत पावल्या.

दिल्ली मतगणना - 40

राष्ट्रीय राजधानी दिल्लींतल्या, सगल्या 70 विधानसभा सुवातांखातीर, 19 मतदान केंद्रांनी, मतमेजणीक सुरूवात जाल्या. सगळ्यांत पयलीं, टपाल मतपत्रिका मेजपाक लागल्यात. दिल्लींतली मुखेल लढत आम आदमी पार्टी, भारतीय जनता पार्टी आनी काँग्रेस हांचे मदीं आसा.

भारत सौर उर्जा -

भारतान 100 गीगा वॅट परस चड, सौर उर्जेचें उत्पादन करून, नवीकरणीय ऊर्जा क्षेत्रात म्हत्वाची मोख साध्य केल्या. ताका लागून नवीकरणीय उर्जेच्या मळार संवसारीक पांवड्यार भारताची सुवात आनीक घटमुट जाल्या. नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्रालयान निवेदनांत म्हणलां, की हे यश देशाच्या नितळ, पाचव्या फुडारा कडेन आशिल्ल्या वचनबद्धतेची गवाय आसा. प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी 2030 मेरेन, 500 गीगावॅट बिगर जीवाश्म इंधनाचेर आदारिल्ली,

उर्जा क्षमता साध्य करपाचें, महत्वाकांक्षी लक्ष्य दवरला, ते दिकेन हें एक मोठे पावल आसा. नवी आनी नवीकरणीय उर्जा मंत्री प्रहलाद जोशी हांणी सांगलें, कि फाटल्या धा वर्सांतलो भारताचो उर्जा प्रवास, इतिहासीक आनी प्रेरणादायी आसा. सोलर पॅनल, सोलर पार्क, सोलर प्रकल्प अशा उपक्रमांक लागून क्रांतीकारी बदल घडल्यात. भारत आत्मनिर्भर जावपाक लागला आनी हरित उर्जेच्या मळार संवसाराक एक नवो मार्ग दाखोवंक लागला, अशें तांणी सांगलें. भारतान सौर उर्जेच्या उत्पादनांतय बरीच उदरगत केल्या. 2014 वर्सा देशांतली सौर मॉड्यूल उत्पादन क्षमता फकत, 2 गीगावॉट आशिल्ली. पूण फाटल्या दशकांत 2024 मेरेन, ती 60 गीगावॉट मेरेन वाडल्या आनी ताका लागून भारत सौर उत्पादनांत संवसारीक फुडारी जाला.

PM America -

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फुडल्या आठवड्यात फ्रान्स आणि अमेरिकेच्या उच्च-प्रोफाइल राजनैतिक दौऱ्यार वतले. त्यांचा हो दौरा दोनुय देशांवांगडा धोरणात्मक, आर्थिक आणि तांत्रिक भागीदारी मजबूत करपाचेर भर दितलो . फ्रान्साचे राष्ट्राध्यक्ष इमॅन्युएल मॅक्रॉन हांच्या निमंत्रणावेल्यान प्रधान मंत्रीनरेंद्र मोदी हांचो १० ते १२ फेब्रुवारीक फ्रान्स दौरा आसा. या भेटीचे मुख्य आकर्षण AI ॲक्शन समिट आसतले, जंय जागतिक फुडारी कृत्रिम बुद्धिमत्ता प्रशासनाच्या भविष्यार चर्चा करतले. भारत, शिखर परिषदेचे सह-अध्यक्ष म्हणून, नैतिक AI विकास, सुलभता आणि नवकल्पना हाचेर भर दिवन, आंतरराष्ट्रीय AI धोरणा तयार करपाक महत्त्वपूर्ण भूमिका निभायतलो.

पीएम वेव्स - 110

मनरिजवण, सृजनशीलताय आनी संस्कृतायेचो संवसार एकठांय हाडपी, जागतीक शिखर सभेच्या, वेव्साच्या सल्लागार मंडळाची, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी विस्तारान बसका घेतली. भारत आनी संवसारांतल्या मुखेल तज्ञांकडेन ताणें संवाद सादलो, तातूंत अभिनेते अमिताभ बच्चन, दिलजीत दोसांझ, रजनीकांत, शाहरुख खान, रणबीर कपूर, चिरंजीवी, अनिल कपूर, अक्षय कुमार आनी अनुपम खेर हांचो आस्पाव जाता. तशेंच संगीत दिग्दर्शक ए.आर.रहमान,

रिलायन्स इंडस्ट्रीजचे अध्यक्ष मुकेश अंबानी, मायक्रोसॉफ्टचे सीईओ सत्य नाडेला, महिंद्रा अँड महिंद्राचे अध्यक्ष आनंद महिंद्रा आनी हेरां कडेन प्रधानमंत्र्यांनी संवाद सादलो. सोशल मिडियाचेर केल्ल्या पोस्टांत मोदी हांणी सांगलें, कि सल्लागार मंडळाचे वांगडी वेगवेगळ्या थरांतले नामनेचे व्यक्ती आसात. भारताक जागतीक मनरिजवचें केंद्र करपाखातीर, भारताचे यत्न आनीक कशे वाडोवचे हाचेर तांणी आपलो तेंको आसा, अशें तांणी सांगलें.

Mumbai Shah Narco - 60

मुंबईत अत्यंत उच्च दर्जाचे कोकेन, गांजा आणि गांजा जप्त केला आणि चार जणांक अटक करपाक महत्त्वपूर्ण यश मेळळ्ल्याबद्दल, गृहमंत्री अमित शहा हांणी भारताच्या नार्कोटिक्स कंट्रोल ब्युरोचे अभिनंदन केले. एका सोशल मीडिया पोस्टात तांणी म्हणले की, अंमली पदार्थमुक्त भारत प्रत्यक्षात हाडपाक अवलंब केल्या तपासाखातीर वयरपासून सकयल पर्यंतच्या दृष्टिकोनाच्या यशाचौ हो पुरावो आसा. तांणी म्हणले की, भारत ड्रग कार्टेलाक शून्य सहनशीलतेन चिड्डुन उडयतलो.

Skill India Ashwini -

सरकारान 2022-23 ते 2025-26 या कालावधीखातीर स्किल इंडिया कार्यक्रमाक 8,800 कोटी रुपया मंजूर केल्यात. माहिती आणि प्रसारण मंत्री अश्विनी वैष्णव हांणी नवी दिल्लीत प्रसारमाध्यमांक माहिती दिताना सांगले की, मागणी-आधारित कुशळताय विकास हे सरकारचे लक्ष आसा आणि अभिसरण आणि गुणवत्ता वाढीर भर दितले . तांणी म्हणले की, देशभरातली मागणी-चलित, तंत्रज्ञान-सक्षम आणि उद्योग-संरेखित प्रशिक्षण एकठांय करून कुशल, फुडाराखातीर कर्मचारी तयार करपाच्या सरकारच्या वचनबद्धतेक हे अधोरेखित करता. प्रधानमंत्री कौशल विकास योजना 4.0, प्रधानमंत्री राष्ट्रीय शिकाऊ पदोन्नती योजना आणि जनशिक्षण संस्था योजना आता कौशल्य भारत कार्यक्रमाच्या संयुक्त केंद्रीय क्षेत्र योजनेअंतर्गत एकत्रित केल्यात. वैष्णव हांणी म्हणले की, सरकारान सफाई कर्मचाऱ्यांच्या राष्ट्रीय आयोगाचो कार्यकाळ 31 मार्च 2028 पर्यंत तीन वर्षांखातीर वाढोवपाकुय मान्यता दिल्या. मंत्रयान म्हणले

की हाका लागुन स्वच्छता कामगारांच्या सामाजिक-आर्थिक उन्नती खातीर, स्वच्छता क्षेत्रातल्या कामाची परिस्थिती सुधारपाक मदत जातली आणि स्वच्छतेचे लक्ष्य साध्य करपाक जातले मंत्र्यांनी अशेय सांगले की दक्षिण कोस्ट रेल्वे झोनाक कार्योत्तर मान्यता दिल्या, जाकालागुन रेल्वेच्या कामकाजाची कार्यक्षमता वाढतली.

PTI Niti Aayog -

2047 मेरेन विकसीत भारत साध्य करपा खातीर धाडसी सुदारणा, शाश्वत उर्जा धोरणां आनी जागतीक वेपारांत फुडारपणची भूमिका महत्त्वाची आसतली अशें सरकारी विचार मंडळ नीती आयोगान सांगलां. भारताची जागतीक वेपारी स्थिती वाडोवपाचे संभाव्य मार्ग म्हणून वेपार उदारीकरण, दर उणो करप आनी तंत्रीक सहकार्याचो सोद लायला अशें तातूंत म्हणलां. हें निरिक्षण नवी दिल्लींत निती आयोगान आयोजीत केल्ल्या 'विकसीत भारत @ 2047: अर्थवेवस्था, राष्ट्रीय सुरक्षा, जागतीक भागीदारी आनी कायद्याचें राज्य घटमूट करप' परिशदेंत पॅनेलच्या सदस्यांनी मांडले.संशोधन आनी विकास, अर्थीक एकात्मता, आनी जागतीक पुरवण साखळींत खाजगी क्षेत्राची गुंतवणूक वाडोवपाची गरज आसा हाचेर पॅनेलच्या सदस्यांनी भर दिलो. 2047 मेरेन विकसीत भारत साध्य करपा खातीर धाडसी सुदारणा, टिकावू उर्जा धोरणां आनी जागतीक वेपारांत फुडारपणाची भुमिका म्हत्वाची थारतली हाचेर एकमत जाले अशें तातूंत म्हणलां.

TENNIS मुंबई उक्ते -

मुंबयंत जावपी, एल अँड टी मुंबय बायलांच्या उक्त्या एकोड्या टेनिस सर्तींत, माया राजेश्वरान उपांत्य फेरयेंत पावल्या. 15 वर्सां पिरायेच्या मायान, क्वार्टर फायनलींत जपानाच्या मेई यामागुचीक 6-4, 3-6, 6-2 अशा सेटांनी हारयली. आतां एकोड्या सर्तींत पयल्या क्रमांकाच्या इनामा खातीर, सर्त करपी ती एकलीच भारतीय जाल्या आनी आयज उपांत्य फेरयेंत, स्वित्झर्लंडाच्या जिल

टेचमन हांचे आड खेळटली. बायलांच्या दोट्टी सर्तींत प्रार्थना थोंबरे आनी एरियान हार्टोनोन, ह्या जोडयेन सेमीफायनलीत एडन सिल्वा आनी अनास्तासिया तिखो-नोवा हांकां 2-6, 6-4, 10-2 अशे हरोवन सेगीत दुसऱ्या वर्सा, खिताब सर्तींत सुवात मेळयल्या.

AWG -

नवव्या आशियाई शियाळी खेळ (AWG) 2025क ईशान्य चीनच्या Heilongjiang प्रांताची राजधानी हार्बिनात सुरुवात जाल्या. चीनाचे राष्ट्राध्यक्ष शी जिनपिंग हांणी काल सांजे आंतरराष्ट्रीय ऑलिम्पिक समितीचे अध्यक्ष थॉमस बाख हांच्यासयत मान्यवरांच्या उपस्थितीत खेळांचे उक्तावण घोषित केले. या महिन्याच्या १४ तारखेपर्यंत खेळ सुरू उमटले. या खेळांत विक्रमी ३४ देश आणि प्रदेश भाग घेतात. 88 सदस्यीय भारतीय पंगड, जातुंत 59 खेळाडू आणि 29 संघ अधिकारी  सहभागी जातले.

आयएमडी हवामान - 70

भारतीय  हवामान खात्यान आयज, ओडिशात एकसुऱ्या वाठारानी, दाट धुकें पडटलें असो अदमास उक्तायला. अरुणाचल प्रदेश आनी ईशान्य आसामांत, फुडल्या 2-3 दिसांनी गडगड आनी जगला सयत, तुरळक ते मध्यम प्रमाणात पावस पडूं येता. फुडले 3 दीस, देशाच्या उदेंत वाठारात उण्यांत उणें तापमान, तशेच उरपाची शक्यताय आसा. मध्य भारत आनी महाराष्ट्रांत फुडल्या ४-५ दिसांत, चडांत चड तापमान २ ते ४ अंश सेल्सियस ल्हव ल्हव वाडूंक शकता, असो अदमास हवामान खात्यानं उक्तायला.

परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो

- राजधानी दिल्लींतल्या, सगल्या 70 विधानसभा सुवातांखातीर, 19 मतदान केंद्रांनी, मतमेजणीक सुरूवात  जाल्या.

- भारतान 100 गीगा वॅट परस चड, सौर उर्जेचें उत्पादन करून, नवीकरणीय ऊर्जा क्षेत्रात म्हत्वाची मोख साध्य केल्या.
- प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी फुडल्या सप्तकात, सोमारच्यान  फ्रान्स आणि अमेरिकेच्या राजनैतिक दौऱ्यार वतले.
- एल अँड टी मुंबय, ह्या बायलांच्या उक्त्या एकोड्या टेनिस सर्तींत, माया राजेश्वरन सेमी-फायनलीत पावल्या.

नमस्कार